# <u>प्रादेशिक खबरो</u>

२९.०१.२०२६ ७.20 pm

व्याज मुक्त शिक्षणीक रीण IFEL येवजणेच्या लावार्थ्यांक गोंय सरकारान वन टाईम सेटलमेंट (ओटीएस) येवजण सुरू केल्या

एसटी समाजाच्या राजकी आरक्षण मेळपाक कसलींच आडमेळीं येवचीं नात, अशें केंद्रीय कायदो मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी स्पश्ट केलां

चवथ्या इंडिया ॲनर्जी विक कार्यावळीत तिसऱ्या दिसा केंद्रीय पेट्रोलियम आनी निसर्गीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी प्रदर्शनाची पळाेवणी केली.

जिल्हो पंचायतीक नवी जापसालदारी दिवपा विशीची घोशणा बेगीनूच जातली, अशें पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगला

रश्मी/गणेश 160

व्याज मुक्त शिक्षणीक रीण IFEL येवजणेच्या लावार्थ्यांक डिफॉल्ट रिणाचेर दंडात्मक व्याज माफ करून सुटका दिवपा खातीर गोंय सरकारान वन टाईम सेटलमेंट (ओटीएस) येवजण सुरू केल्या.ही येवजण 1 फेब्रुवारी 2026 सावन लागू जातली, आनी 6 म्हयने चालू उरतली.सुमार 1,402 डिफॉल्ट लावार्थ्यांक हे येवजणेचो फायदो जावपाची अपेक्षा आशिल्ली, जातूंत वट्ट उरिल्ली रक्कम सुमार 21.30 कोटी रुपया आसपावीत आसा. IFEL येवजणेन हजारांनी विद्यार्थ्यांक उच्च शिक्षणाक आदार दिला, तातूंतल्या जायत्या जाणांनी आपलें रीण फारीक केलां वा नेमान फारीक करतात; पूण जायत्या लावार्थ्यांक तांच्या नियंत्रणा भायर आशिल्ल्या घटकांक लागून डिफॉल्ट जालें. 1402 विद्यार्थ्यां कडल्यान वट्ट 21 कोटी रूपयांची थकबाकी आसा.2 म्हयन्यात थकबाकी फारीक करपा खातीर : थकबाकी आनी थकबाकीचेर 5 टक्के कळंतर,4 म्हयन्यात थकबाकी फारीक करपा खातीर : थकबाकी आनी थकबाकीचेर 10 टक्के कळंतर,6 म्हयन्यात थकबाकी फारीक करपा खातीर : थकबाकी आनी थकबाकीचेर 15 टक्के कळंतर फारीक करचे पडटले.हप्ते फारीक करपाची मुजत आसा तांचे खातीर 3म्हयन्यात प्रलंबित आशिल्ले हप्ते फारीक केल्यार दंडाची रक्कम लागू जावची ना. फुडले हप्ते मात वेळेत भरचे पडटले. अशें ह्या येवजणेचे स्वरूप आसा.

सुशांत 180

एसटी समाजाच्या राजकी आरक्षण मेळपाक कसलींच आडमेळीं येवचीं नात, अशें केंद्रीय कायदो मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी स्पश्ट केलां. फुडल्या पंदरा दिसांत हेविशीची प्रक्रिया सुरु करतले अशें तांणी स्पश्ट केलां. २०२७ च्या वेंचणुकां पयलीं आदिवासी समाजाक राजकी आरक्षण मेळचें अशें आमचे यत्न आसात, अशें आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी मडगांवां सांगलें. तवडकार हांणी दिल्लीत वचून हालीच केंद्रीय कायदो मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांची भेट घेतिल्ली. हेविशीं अदीक म्हायती दितना तांणी सांगलें, एसटी राजकी आरक्षण विधेयकाक संसदेच्या दोनूय सभाघरां कडल्यान मंजुरी मेळ्ळया. नवी दिल्लीक शिश्टमंडळ घेवन वचून कायदो मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांकां, आरक्षण लागू करपाक ज्यो तांत्रीक आडखळी आसतल्यो वा तातूंत कांय त्रुटी आसतल्यो ताचेर बेगोबेग कार्यवाही करपाचे मागणेचें निवेदन सादर केलां.गोंयांत बांदपी एसटी भवनाचें कामूय बेगीनूच सुरू जातले अशें तवडकार हांणी सांगलें. हे भवन बांदपाखातीर आदिवासी कल्याण खात्या कडेन गरजेचो असो तांत्रीक विभाग नाशिल्लो, ताची निर्मिती आतां केल्या.

आदिवासी खात्याच्याच तांत्रीक विभागा कडल्यान आदिवासी भवनाचें काम करचें असो थाराव घेतिल्लो. ही सुवातूय सरकाराच्या ताब्यांत आशिल्ल्यान सुवातेचो प्रस्न येवचो ना. ते प्रमाण एसटी भवनाची पंदरा दिसांनी प्रक्रिया सुरु जातली आनी फुडल्या दोन म्हयन्यांनी आदिवासी भवनाच्या कामाक सुरवात जातली, अशी म्हायती मंत्री तवडकार हांणी दिली.

सुशांत 160

तरणाटो हो खंयच्याय समाजाची एक बुन्याद आसता. समाज ताकदवान जावचे खातीर युवा पिळगी सक्षम आसपाक जाय. गोंयांतलो आदिवासी समाजातलो युवक खंयच्याय पावंड्यार फाटी उरचो ना असो दृश्टीकोन धरुन गोय सरकारान जायत्यो येवजण्यो हाडल्यात अशें आदिवासी कल्याण खात्याचे मंत्री रमेश तवडकार हांणी सांगले.गोंय सरकारच्या आदिवासी कल्याण खात्यावतीन मडगांवां घडोवन हाडिल्ल्या सातव्या आदिवासी विद्यार्थी संमेलनाचे तवडकार हांचे हस्तुकी उक्तावण

मडगावच्या रवीन्द्र भवनात जाले.. ह्यावेळार मुखेल उलोवपी म्हूण प्रणय प्रभूगावकार आशिल्ले. आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक निलेश धायगोडकार,एसटी महामंडळाचे अध्यक्ष वासुदेव मोंग गावकार, एसटी महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक प्रितीदास गावकार, तसेच खेळा खात्याचे संचालक अजय गावडे हे ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.

आदिवासी कल्याणाखातीर केंद्र सरकारान आपल्या अदमास पत्रकात १५ हजार कोटींची तजवीज केल्या. तांतले ५०० कोटी रुपयांचे अनुदान गोंयांक दिवंचे अशी मागणी केंद्र सरकाराकडेन केल्या. ह्या निधीतल्यान आदिवासी युवकांखातीर वेगवेगळ्या येवजणो चालीक लावंक शक्य आसा अशें तांणी सांगलें.

ह्यावेळार केपे सरकारी म्हाविद्यालयान सुरु केल्ल्या आदिवासी खाण जेवण ह्या वेबसायटीचे उक्तावण जाले. उचय आदिवासी समाजातल्या उच्च शिक्षण घेतिल्ल्य तरणाट्यांचो ह्यावेळार भौमान केलो. तेचप्रमाण लक्ष्यसिद्धी येवजणेच्या लाभाऱ्थ्याक निधी वांटलो.

सुशांत 240

बेतूल हांगा चालू आशिल्ल्या चवथ्या इंडिया ॲनर्जी विक ह्या चार दिसांच्या कार्यावळीत तिसऱ्या दिसाय भारताक जाय आशिल्ली उर्जा आनी ती मेळोवपाखातीर वेगवेगळी नवी साधनां ह्याविशीं वेगवेगळ्या चर्चासत्रांनी भासाभास जाली. ह्यावेळार अोएनजीसी वाठारात वेगवेगळी प्रात्यक्षिकांय सादर केली.

ह्या सप्तकांनिमतान ओएनजीसी, इंडियन आॅयल कॉर्पोरेशन, हिंदुस्थान पेट्रोलियम काॅर्पोरेशन आनी हेर म्हामंडळाकडल्यान तेल आनी उर्जा ह्या वाठारात जी नवी संशोधना केल्यात तांच्या आविश्काराचे प्रदर्शन मांडिल्ले आसुन केंद्रीय पेट्रोलियम आनी निसर्गीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी ताची पळाेवणी केली. केंद्रीय मंत्री हरदीप सिंग पुरी यांनी घोषणा केली की, येत्या काय दसकांत भारत जागतिक ऊर्जा मागणी वाढीच्या एक तृतीयांश परस चड वाढ कर पाक सज्ज आसा. पाचशे अब्ज डॉलर्सच्या आश्चर्यकारक आर्थिक संधींसयत या कार्यक्रमात ब्राझीला वांगडा व्हडा प्रमाणात कच्च्या तेलाची कबलात आणि युएईतल्यान सैमिक वायू आयात

वाडोवपा सयत व्हड धोरणात्मक कबलाती जाल्यो पारंपारिक इंधनांपलतडी, नाविन्यपूर्णतेर लक्ष केंद्रित केला. दर्या शैवाळ्यापासून केल्ले बायोक्रूड आणि बांबू इथेनॉलपासून ते अत्याधुनिक हायड्रोजन ड्रोन मेरेन भारत ऊर्जा सुरक्षा आणि जलद डीकार्बोनायझेशनच्या दोटरी मार्गार आसा. प्रधानमंत्री मोदींच्या जागतिक सीईओ वांगडच्या गोलमेज परिषदेन स्वच्छ, हरीत फाल्या खातीर एक विश्वासार्ह, भागीदार म्हणून भारताचो दर्जा आणखी मजबूत केला.अशे पुरी हाणी म्हणले

२०५० मेरेन भारताची उर्जेची मागणी दोब्रादीन वाडटली अशें ओपेकचे उर्जा संशोधन विभागातले मुखेली डॉ. अबदेरेजाक बेनयुसेफ हांणी सांगलें. जाल्यार भारतातली तेलाची आयात उणे जावची ह्याखातीर वेगवेगळे उपाय घेवप चालू आसा तातूंत इथेनॉलचो वापर हो म्हत्वाचो वांटो जावन आसा. अशें इंडियन रिन्यूएबल ॲनर्जी डेव्हलपमेंट एजन्सी चे अध्यक्ष प्रदीपकुमार दास हांणी सांगलें.

गणेश 110

जिल्हो पंचायतीक नवी जापसालदारी दिवपा विशीची घोशणा बेगीनूच जातली, अशें पंचायत मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगला. बिरेस्तारा जीपार्ड वतीन नव्या जिल्लो पंचायत वांगड्यां खातीर आयोजीत केल्ल्या प्रशिक्षण शिबिराच्या उक्तावणाक ते उलयताले. ह्या वेळार संचालक महादेव आरोंदेकार, जीपार्ड संचालक वासुदेव शेट्ये आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. जीपार्ड वतीन दिवपी प्रशिक्षण पंचायत वांगड्यांक उपेगी थारतलें. हाका लागून तांकां आपली जापसालदारी आनी कर्तव्यांची जाण जातली. वांगड्यांनी आपले आनी विरोधी मतदार असो भेदभाव सोडून सगल्यां खातीर काम करचे अशें तांणी मुखार म्हणलें.

मंत्री मावीन गुदिन्हो हांणी, गोंय हें एक पर्यटन राज्य आशिल्ल्यान नितळसाणेचेर भर दिवप गरजेचें आसा. खुबश्या सुवातांचेर आजून लेगीत कोयर वेवस्थापन योग्य पद्धतीन जायना. रस्त्यार कोयर उडयतात अशे सांगले

रश्मी 150

घुवळी वखदाआड  पंजाबात खर कारवाय जाता. घुवली वखदांचो वेवाहर  करपी मनशांक अटक करुन तांचेर कारवाय करतना, तांच्या मालमत्तेचेरं  लेगीत  पंजाब  सरकारान कडक कारवाय केला अशे पंजाबचे  मुख्यमंत्री भगवान मान हाणी म्हणला . ते पणजे आम आदमी पक्षावतीन आयोजित केल्या पत्रकार पीरशदेत उलयताले. सरकारान हातान घेतिल्लया ह्या कारवायेखातीर आता पंजाबात ड्रग्स वेपारांत आसपी लोकां मदीं भंय निर्माण जाला आनी राज्यांत ड्रग्स संबंदीत वावर उणो जाला असो विस्वास ह्या वेळार  भगवान मान हांणी उक्ताय्लो.पंजाबात  बरी भलायीक  सेवा , तशेच  वीज सुविधा उपलब्ध  करपाक  आम आदमी पक्षाचे सरकार येसस्वी थारला असो दावो तांणी  केला. हय़ावेळार  आम आदमी पक्षाची  गोंय प्रभारी आतिशी मारलेना, तसेच  पक्षाचे फुडारी वाल्मिकी नायक, तशेच  हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. गोंयात आनी पंजाबात  तशे पळोवपाक गेल्यार खुपशे साम्य आसा, हांतुन गोंय आनी पंजाबात जावपी विधानसभा  तारको  लेगीत आसपाव येता अशे  भगवान मान हाणी म्हणला. ह्या वेळार तांणी पंजाब हेल्थ मॉडेलाची म्हायती दिली. जाल्यार गोंयात लेगीत अशा पद्दतीचो हेल्थ  मोडेल येवप गरजेचे आसा अशे तांणी म्हणला.

Dip 45

मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेन फाल्या सकाळी 10.30 वराचेर गोंय विद्यापिठाच्या ब्लॉक-बी सेमिनार हॉलांत राष्ट्रीय पांवड्याचेर बहुभाशीक कवी संमेलन आयोजीत केला. गोंय विद्यापिठाचे रजिस्ट्रार डॉ. सुंदर धुरी हांच्या हस्तुकीं महाराष्ट्रातले नामनेचे कवी अरूण म्हात्रे, संमेलनाचे अध्यक्ष दिलीप बोरकर, आयएमबी चे वांगडी सचीव अशोक परब हांच्या उपस्थितीत संमेलनाचे उक्तावण जातले.

Dip  90

भारत सरकाराच्या सुचोवण्यां प्रमाण भारताच्या स्वातंत्र्याच्या लढ्यात आपल्या प्राणांची आहुती दिल्ल्या लोकांचो उगडास करपाक 30 जानेवारीक सकाळीं देशभरांत 2 मिनिटांचे मौन पाळतले.जय शक्य आसल्यार दोन मिनटांचे मौन कालावधीची सुरुवात आणि समाप्ती सायरन वा लष्करी तोफांच्या आवाजान सूचित करची . सकाळीं 10.59 ते 11.00 मेरेन सायरन वाजोवंक जाय आनी दोन मिनटां उपरांत सकाळीं 11.02 ते 11.03 मेरेन परतून 'ऑल क्लियर' सायरन वाजोवंक जाय. जंय सायरनची व्यवस्था आसा ,थय ही कार्यपद्धती वापरु येता. संकेत आयकले उपरांत सगळयानी उभे रावन मौन पाळचे. ज्या सुवातानी कसलीच संकेत प्रणाली उपलब्ध ना, अशा सुवातिनी सकाळी ११.०० क दोन मिनिटा मौन पाळपा विशी सगळया संबंधितांक योग्य सूचना दितले

Dip 60

राज्यसभेचे खासदार सदानंद तानावडे यांनी नवी दिल्लीतल्या इतिहासिक लाल किल्ल्यार आयोजित भारत पर्व उत्सवाक भेट दिली. त्यांनी गोवा पर्यटन खात्याच्या दालनाक भेट दिली आणि राज्याचे समृद्ध सांस्कृतिक दायज, पर्यटन साधनसुविधा आणि इ तिहासिक दायजावेले प्रदर्शनाची पळोवणी केली.पर्यटन खात्याचे बिब्वा गावकर, माहिती आणि प्रसिद्धी खात्याचे संयुक्त संचालक पंकज मराठे आणि सहाय्यक माहिती अधिकारी श्याम गावकर यांनी. तानावडे हांका येवकार दिलो .

स्पोर्ट्स 80

शटलर्स क्लबाक 95 धांवड्यांनी हारोवन सुपर स्पोर्ट्स क्लबान गोंय क्रिकेट संघटणेन आयोजीत केल्ली तिसवाडी क विभाग लीग क्रिकेट सर्त जिखली.

वेदर 25

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल 31.७ आणि  किमान २१.5 नोंद जाला .राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले.